**<u>गोंय क्रांती दिसानिमतान राज्यपालाचो संदेश</u>**

ता. 17 जून 2021

गोंयचे राज्यपाल श्री. भगत सिंह कोश्यारी हांणी गोंयच्या लोकांक गोंय क्रांती दिसाची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, “18 जूनाच्या गोंय क्रांती दिसाच्या इतिहासीक प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी हुनहुनीत परबीं आनी शुभकामना भेटयता.

1946 वर्सा ह्याच दिसा ब्रिटीशाआडच्या भारत स्वातंत्र्य चळवळीचे म्हान स्वातंत्र्य सैनिक डॉ. राम मनोहर लोहिया हांणी गोंयच्या लोकांक मुळावें नागरी हक्क नकारपाच्या कृती विरोधात मडगांवच्या लोहिया मैदानावयल्यान अभूतपूर्व चळवळ सूरू केली. ह्या दिसा लोहिया मैदानाचेर जनसागर एकटाय आयलो. पोर्तुगीज अधिकाऱ्यांच्या विरोधाक आव्हान दिवन ते आपले भाशण दिवपाखातीर लोहिया मैदानाचेर पावले. तांणी पोर्तुगीज पुलीसांक  आपल्याक गुळी घालून मारपाचे आव्हान दिले. तांचे हे धाडस पळोवन लोकांच्या जमावाक स्फुर्त मेळ्ळी. तांणी गोंयच्या लोकांक एकवटान जुलूमशाय परकीय सत्तेआड लडपाखातीर मारिल्ल्या  कळकळीच्या  उल्यान देशभक्तीच्या भावनेन भरिल्ल्या गोंयकारांक राज्याच्या मुक्ती खातीर  लडपाची प्रेरणा मेळ्ळी. डॉ. लोहियान त्या म्हत्वाच्या सांजवेळार लोकांच्या मनात क्रांतीची ज्योत पेटयली, जी स्वातंत्र्य मेळमेरेन पेटत रावली. लोहिया मैदानावयली तांची उपस्थिती आनी तांणी गोंयच्या लोकांक मारिल्ल्या उल्यान गोंय मुक्ती चळवळीक नवी आनी परिणामकारक दिशा मेळ्ळी आनी गोंयच्या मुक्ती चळवळीच्या इतिहासात कीर्तवंत अंतिम नवो अद्याय उकतो जालो. त्याखातीर ह्या दिसाक क्रांती दीस म्हणला.

ह्या उगडासाच्या प्रसंगार आमी सगळ्यांनी हुतात्मे, स्वातंत्र्य सैनिक आनी फुडाऱ्यांच्या स्मृतीक अभिवादन करूया, जांच्या  पराक्रमाक लागून गोंय भारताचो एक भाग जावन आपले स्वताचे भवितव्य घडोवपात पावले. ह्या म्हान आत्म्यांच्या त्यागाक लागून  गोंय आयज एक प्रगतशील आनी भरभराटीचे कल्याणकारी राज्य म्हुण दिमाखान उबें आसा.

आयच्या ह्या इतिहासीक आनी उगडासाच्या प्रसंगार आमी सगळ्यांनी राज्याची सगळ्यां मळार भरीव प्रगती करपाखातीर स्वता समर्पित जावया, अशें  राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/536

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji